# म्हजेकडेन आसा तें राजाकडेन ना
# आनी
# हेर नाटकुलीं

पुष्पलता म. कामत

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No. 1165
285
Dr: Dev
Pus

# म्हजेकडेन आसा तें राजाकडेन ना
# आनी
# हेर नाटकुलीं

(भाग - पयलो)

Acc. No: 1165

लेखिका

*पुष्पलता म. कामत*

# MOJHE KODEN ASA TEM RAJAKODEN NA & OTHER PLAYLETS

Collection of Konkani Playlets

By Smt. Pushpalata M. Kamat

© श्रीमती पुष्पलता म. कामत

**पयली उजवाडावणी :**
२००५

**प्रकाशक :**
सौ. अंजनी अनंत भट्ट
श्री शांतादुर्गा महालसा देवळालागीं
म्हाड्डोळ गोंय – ४०३ ४०४

**पुस्तक वेव्हाराचो नामो**
डॉ. अनंत राम भट्ट
श्री वाडेसांतेरी मंदिर
म्हाड्डोळ गोंय ४०३ ४०४
फोन : २३४३३३

**छापपी :**
नवादित्य पॅकेजिंग्स,
माशेल, गोंय

**अक्षर जुळणी**
पूनम आ. शिरोडकार

**मुखचित्र :**
गिरीश नावेलकार
बिंदिया रत्नाकर दळवी

**मोल : ३०/- रुपया**

A, PUS CP06
285
Dr: Dev.
Pus

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000285

# मनोगत

म्हजी आजी आनी म्हजो बापूय हांचेकडच्यान भुरगेपणांत काणयो आयकल्ल्यो. तातूंत म्हजे अल्पबुद्धी परमाण थोडो बदल करून माणकुल्यांचे सोयीखातीर आनी मनोरंजनाखातीर हीं नाटकुलीं हांवें बरयलीं. तीं नाटकुलीं तांचेमुखार दवरपाचो हांवें बरोच येत्न केलो. पूण तें शक्य जालेंना. आज देवादयेन तीं तुमचे फुडें येतात हाची म्हाका खोस लागता.

आकाशवाणीचे मुख्य निवेदक श्री. रामानंद जोशी, सौ. हिरा नाईक तशेंच म्हजे सहकारी शिक्षक श्री. बळीराम पाटील, सौ. मीरा कामत, सौ. स्नेहलता धुमे आनी म्हजो मित्र श्री. सागर खंवटो ह्या सगल्यांचें हांव उपकारी आसां.

म्हज्या बाबाचे जीवश्च कंठश्च मित्र दो. अनंत राम भट हांचें तर हांव चडच उपकारी आसां. तांणी हें पुस्तक स्वताचेंच अशें समजून अथपासून इतिपर्यंत सगळी जापसालकी घेवन उजवाडाक हाडपाक मदत केली.

चित्रकार श्री. गिरिश नावेलकर तसेंच कु. बिंदिया रत्नाकर दळवी हांचेय हांव उपकारी आसा.

हें पुस्तक उजवाडाक हाडूंक गोवा कोंकणी अकादेमान पालव दिल्ले खातीर हांव तिचे उपकार मानतां. हे भायर हें पुस्तक फुडें हाडपाक येत्न केला तांचेय बी उपकार आठयतां.

**- पुष्पलता म. कामत**

**श्रीमती पुष्पलता म. कामत**
सरकारी मुळावी शिक्षिका
नागझरवाडो, भोम
पोष्ट माशेल - गोंय
फोन.: २३९६०२७

ओंपणी

म्हज्या आवय बापायचे यादीखातीर
माणकुल्या भुरग्यांक भेट

# म्हजेकडेन आसा तें राजाकडेन ना

(स्थळ : राजमहाल. राजा सिंहासनार बसला. दोशीं दोन शिपाय हातात भाले घेवन ताठ उबे आसात. पोरसात झाडार बसून एक शेवणे गायता.

**शेवणे** : म्हजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना. (हे वाक्य ते ४/५ दा म्हण्टा)

**राजा** : (जनेलांतल्यान भायर पळेता. पुण ताका ते दिसना. फकत आवाज आयकूंक येता. स्वगत.) कोण म्हण्टा म्हजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना ? म्हजेकडेन ना अशी वस्तच ना. एदे व्हडले हें राज्य, भांगर - शिंगर, उंची भरजरी कपडे, राजवाडो, नोकर - चाकर सगळे सगळे म्हजेकडेन आसा. आनी कोण म्हाका केण्टा म्हजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना म्हणून. (मोठ्यान) कोण आसा रे थंय ?

दोनी शिपाय : (जागेवयले हालनासतना परथून परथून राजाचें तेंच वाक्य उच्चारतात.) कोण आसा रे थंय ? कोण आसा रे थंय ?

दारावयलो शिपाय : पड्ड्या भितर कोण आसा थंय ? (ताळी मारता. इतल्यान एक शिपाय भितरसून वेगळेच चालीन येवन राजाक सलाम करता. लेफ्ट - रायट शेंपडी टायट, लेफ्ट - रायट शेंपडी टायट, ४ ते ५ वेळां हेच वाक्य म्हण्टा. राजाफुडें येवन आनी दाव्या हातान सलाम करता.) शी म्हाराज !!

राजा : (तिडकून) आरे ! महाराजाक शी म्हण्टात ? जी महाराज म्हणप.

दोनी शिपाय : (वयर सांगिल्लेप्रमाण राजाची वाक्यां उच्चारतात.) आरे ! महाराजाक शी म्हण्टात ? जी महाराज म्हणप.

राजा : म्हण पयली जी महाराज ! चुकलो महाराज म्हण. नाजाल्यार धरतां कान.

दोनी शिपाय : म्हण पयली जी महाराज ! चुकलो महाराज म्हण. नाजाल्यार

धरतां कान.

३ रो शिपाय : नाका. नाका. कान नाका धरूंक. आवयस. म्हण्टा म्हण्टा. जी महाराज ! (दाव्या हातान सलाम करता.)

राजा : बरें. बरें. पुण सलाम तुवें दाव्या हातान केलो. पयली उजव्या हातान सलाम कर. काय दिवं कानाक चावी ? काय दिवं कानाक चावी ?

दोनी शिपाय : पयली उजव्या हातान सलाम कर.काय दिवं कानाक चावी ?

३ रो शिपाय : नाका. नाका. म्हाराज परतो करतां हांव उजव्या हातान सलाम. (उजवो हात उरफाटो धरून सलाम करता.)

राजा : सारको कर. (हाताक धरून दाखयता.)

दोनी शिपाय : सारको कर. (हाताक धरून दाखयतात.)

३ रो शिपाय : जी महाराज. (सारको सलाम करता.) म्हाका कित्याक आपयल्लो महाराजांनी ?

राजा : आंऽ कित्याक आपयल्लो ? (चिंतता. इतल्यान झाडावैलें शेवणें परत गायता.) हां जाली याद. हे थंय मस्तेपणान कोण गायता तें पळय. (शेवणे गायत आसता.) शिपाय सोदता. ताका झाडार शेवणे दिसता. येवन राजाक सांगता.

३ रो शिपाय : हें तें सुबेज शेवणे म्हण्टा तशें.

राजा : कितें म्हण्टा रे शेवणे ?

३ रो शिपाय : ते म्हण्टा म्हजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना.

राजा : किते म्हळें ? तुजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना ? (कान धरता.) केदी मस्तेपणां रे हीं.

दोनी शिपाय : (तशेंच करतात.) (३ रो शिपाय वळवळटां - कान सोड्टा.)

३ रो शिपाय : म्हाराज हांव म्हणना तशें. हें तें शेवणें म्हण्टा तशें. म्हुर्वत ना ताका मातूय. आवय. आवय सोडा कान म्हजो.

राजा : बरें. बरें. सोड्टां कान (कान सोड्टां). धरून हाड ताका हांगा. सारकेंच निवळायता ताका. पळेता कितलीशी मस्ती आसा ती!

३ रो शिपाय : जी म्हाराज. हाड्टां धरून ताका. (वता आनी शेवण्याच्या फाटल्यान लागता. शेवणे ताका नाचयता. ह्या झाडावयलें

त्या झाडार उडून बसता. शिपायक सामको खर्शेता.)

शेवणे : आट फाट धर म्हजी फाट. (हे वाक्य चार पाच फावट म्हण्टा. हेवटेन तेवटेन नाचता आनी परते चाळयता.)

३ रो शिपाय : (राजाकडेन निर्शेवन येता.) म्हाराज ते शेवणें खूपच मस्तें आसा. खरस हाडली म्हाका ताणे सामकी. (खर्शेता)

राजा : तू मरे सामको बाबत ! एदेशें शेवणे . ते आनी खंय तुका मेळना ? मेळना जाल्यार म्होडून उडय ताका. वळवळूंदी तशेंच. म्हण्टकीच मागीर मस्ती जिरतली ताजी ! सुबेज खंयचे !!

दोनी शिपाय : सुबेज खंयचे !

३ रो शिपाय : जी म्हाराज ! म्हाका कितें ? उडयतां मोडून ताका. (पर्थून शेवण्याच्या फाटल्यान लागता. भालो काडून नेम धरून शेवण्याचेर मारता. शेवणे नेम चुकयता. भाला पयस वचून पट्टा. शेवणे लागी येवन नाचत शिपायाक चाळयता.)

शेवणे : शिपायाचो नेम चुकलो-चुकलो राजाचो शिपाय बुकलो - बुकलो! (४ ते ५ वेळां हेच वाक्य चाळयता म्हण्टा. शिपायाक सामकी लज जाता. निर्शेवन तो राजाम्हर्यांत वता.)

३ रो शिपाय : म्हाराज, शेवणें जितलें सुबेज तितलेंच शिटूकय आसा, कशेंच हाताक मेळना. नेमय चुकयलो ताणे म्हजो.

राजा : बरें आसा. असो लागी यो. कान कर हेकडेन. (कानात सांगता.) समजलें ?

२ रो शिपाय : (राजाचेंच वाक्य उच्चारतात.) समजलें. ?

३ रो शिपाय : जी म्हाराज ! तशेंच करता. शिकयतांच ताका रीत. (वता. एक जाळ हाडून हळूच शेवण्याचेर फाटल्यान लिपून उडयता. शेवणे जाळात घुस्पता. सोडोवन घेवंक धडपट्टा. पळून वचूंक सोदता. शिपाय ताका घट धरून मारीत ओडीत राजाकडेन हाट्टा.) यो. यो. यो पयली. आतां तुका कशेंच सोडीना.

शेवणे : (रड्टा) नाका रे - नाका रे पापया मारूंक म्हाका. नाका ऽऽ.

३ रो शिपाय : ऐदोळच्यान बरेच किटकिट्टालें न्हय तूं ? आता कित्याक रड्टा? दाखयता तुका आताच बुकलो कोण तो ? तुजी आज कळपुटीच करता शेश्टी धाडावन. यो पयली. यो. यो अशें. (भरभरीत

ओडीत व्हरून राजाफुडें उबें करता.)

शेवणे : (काकुळटेक येवन) चुकले रे चुकलें हांव. परते केन्नाच तुका बुकलो म्हणना. (हळूच हात सोडोवन पळूंक सोदता. शिपाय ताका ओडीत व्हरून राजामुखार उबें करता.)

३ रो शिपाय : (नेटान) म्हाराज, हाका कसली ख्यास्त दिंव ? हाजी जीब कापूं काय हाजी गोमटीच मारूं ?

राजा : तशें ताका एकदम मारूंक फावना. ताका वळवळावन वळवळावन मारपाक जाय.

दोनी शिपाय : तशें ताका एकदम मारूंक फावना. ताका वळवळावन वळवळावन मारपाक जाय.

३ रो शिपाय : मागीर कितें करूं तर हांव ?

राजा : सांगतां ऽऽ. (चिंतता.) अशें कर. ताका बरें तेल रोस लावन सोडून दी, खांवदी हुमल्यांनी. म्हण्टकीच मस्ती निवळटली सारकी.

(शेवणें नाका म्हणून पयलीं काकळुटेक येता)

शेवणे : नाका रे. नाका रे लांवक तेल-रोस. हुमले खातले मरे म्हाका. मरतलें मरे हांव. (चिंतता)

३ रो शिपाय : (तेल रोस हाडून ताका रगट्टा.)

शेवणे : (आपल्याभितर स्वगत) अशेंच करतां. (मोठ्यान) बरो करून लाय रोस. सारकें लाय तेल. अशें, सारकें लाय. (नेटानेटान हांसत सांगता.) शिपाय रागान तेल रोस रगट्टा.) आनीक इल्लो लाय. सारको घांसून लाय. तेल लाय रोस लाय. म्हजो चाकर राजा शिपाय. (४ पाच वेळा अशें हांसत म्हणून ताळयो पेट्टा. शिपायाक राग येता. तिडकीन तो ताका धुकलून उडयता. शेवणे पट्टा. तशेंच उठून पळूंक सोदता. शिपाय ताका घट धरता. थंयसूनच राजाक विचारता.)

३ रो शिपाय : पळेयात म्हाराज हाजी मस्तेपणां ! जितेंच मारचेशें दिसता हाका. मुड्डूं गोमटी ? (गोमटेक हात घालता)

राजा : राब रे. (चिंतता, ताळी मारता.) अशेंच करता. आयक सांगता. ताका व्हरून खतखतीत उदकात उडयात. मरूंदी हुलपून ताका

पिडा खंयची !!

दोनी शिपाय : हुलपून मरूंनी ताका ! पिडा खंयची !!

३ रो शिपाय : (शेवण्याक ओडीत भितर व्हरता. उदकात कितें तरी पडलेल्याचो आवाज येता.)

शेवणे : (भितर किटकिट्टा. हांसता.) थंड बरें दिसलें म्हाका, थंड बरें दिसलें. शिपाय सापूच झेंण्ड उदक न्हातां थंड. (४ पाच दा हेंच वाक्य ताळयो पेटून म्हण्टा. राजाक भायर खरेंच दिसता. तो तिडकून किंवाट्यान भितर वचूंक करता. शिपाय ताका आडायतात.)

दोगूय शिपाय : नाका म्हाराज नाका. नाका.

राजा : नाका कितें ? आतां खासा हांवच पळेतलों. तुमी सगले बाप्पाच. सांगलेले एकूय काम धड करचेना. वतांच. (शिपाय नाका नाका म्हण्टा थंयच आसा. राजा भितर वचून उदकात हात बुडोवन गजाल मारीत भायर येता.) आवय ऽ गे आवय ऽऽ आवय. फटींग खंयचें. मरूं आशिल्लें नष्टें. (फू फू करून हातार फूक मारता. दोगूय शिपाय राजाचो हात सांसपितात आनी फू फू करून फूक मारतात).

दोगूय शिपाय : फटींग खंयचें. मरूं आशिल्लें नष्टें.

शेवणे : (भितरसून तुवाल्यान आंग पुशीत येता.) तेल लायलें घांसून - उदक न्हालें बसून - राजाच्या तुवाल्यान घेतां पुसून. (चार पांच दा म्हण्टा.)

राजा : काडून घे रे तो तुवालो. धर ताका. हाड हांगा. हरवेंच खावन उडयतां.

३ रो शिपाय : (शेवणे धांवूंक पळेता. शिपाय ताका घट्ट धरता. ओडीत राजाकडेन हाडता) यो अशें यो. यो.

राजा : हाड ताका हांगा. (शिपाय शेवण्याक मारीत राजाकडेन व्हरतात. (शेवणें रड्टा.)

शेवणे : (रडत) सोड रे म्हाका. सोड रे. तुका पळे हांव मज्जा दिता.

३ रो शिपाय : कांयच नाका म्हाका तुगेलें. तुवें पळे म्हाका एदोळच्यान त्रास दिला तितलो पुरो, आता तुका कशेंच सोडिना. (किंवाट्यान

ताका दोनी हातांनी धरून खुदळायता) म्हाराज हें घेयात शेवणे. ताजेर मातूय पातयेवपाचें ना. पळून बी वचत आं तें.

राजा : शेवण्याक पळून वचूंक दिवंक हांव किते तुजेवरी अबर्गत तर? जितेंच खाता ताका !

शेवणे : हांव एदेंशें आसा. तुमचे पोट भरतलें म्हाका खावन ?

राजा : त्यो पंचायती तुका नाकात.तुका हांव खातलों म्हणजे खातलों! तुमी दोगूय तरवारी घेवन थंय रावात. तू भालो घेवन असो राव रे. पळून बी वचत पीडा. तुजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना मूं ? पळेताच तुका ? (दोगूय शिपाय तरसादी घेवन दोशी रावतात. एकटो भालो घेवन उबो रावता. राजा शेवण्याक खांवक तोंड उगट्टा. दोनी हातांनी ताका आयल्यान ओट्टा. एकदम किळांच मारून शेवणें म्हण्टा.)

शेवणे : म्हाराज हो पळे सोरोप. आवयस म्हजे. केदो व्हडलो गे बाये! चाबतलो पळे तुमकां. (शेवण्यान बोट केल्ले जागेकडेन सगळे पळेयतात.शिपाय मात्शें फाटी सरतात. राजाचो हात सैल जाता आनी तेन्नाच हिसको मारून शेवणें हात सोडोवन घेवन चोंच मारून पळटा. पयस वचून परत चाळयता. एकल्या मनश्याक फटयलो फटयलो ! नाल्लाच्या रोसान बाटयलो बाटयलो !! चार पांचदा म्हण्टा. चाळयता.)

राजा : आवय गे ऽ आवय ऽ आवय. कसलें अवचिन्न पळे.

तीनूय शिपाय : (राजासरी येवन राजाचो हात सांसपितात. फूक मारतात. फू. फू. फू.)

राजा : (तिडकून) तुमी इतले जाण आसताना शेवणे पळळें कशें ?

३ रो शिपाय : म्हाराज, शेवण्यान तुमकां बरेच चिकोत केलें. आमी सोर्पाक मारपाक कडेक गेल्याबरोबर तुमकां चोंच मारून तें पळळें. मोटेंच नाड पळयात तें ! आमी खंय जाणात ताजीं लबार्थपणां?

राजा : तें कांयच उपकरचेना ताका धरून हाडपाकच जाय. हांव ताका जन्मठेप दितलो. पाड पडिल्ल्या ? म्हजी तकली सामकी उसळायल्या. अवचिन्न खंयचें ?

तीनूय शिपाय : आमचीय तकली उसळायल्या ताणे ! अवचिन्नान हात दुखयलो

न्हय तुमचो ? मेळूनी मात नाच्च करून उडयतां.

राजा : रावल्यात किते थंय तोंड वरशें करून ? चला बेगीन धरून हाडात ताका. ताजो निकाल लायल्याबगर म्हज्या जिवाक सुसेग मेळपाचो ना. चाळोवन पळळां भाणशिरें !

३ रो शिपाय : पयलीं हाताक मेळपाक जाय तें. मागीर फुडल्यो गजाली. सुमाराचें ना तें ! तुमच्या सुध्दा हातार तोरी दिल्यो ताणे पळेयात.

राजा : ताचेकडेन कितेंय तरी जादू आसपाक जाय.

सगळे : आमकांय तशेंच दिसता म्हाराज. म्हण्टाच पळे तें म्हजेकडेन आसा तें राजाकडेन ना.

राजा : तुमी म्हण्टात तशेंच आसपाक जाय. नाजाल्यार एदेशें शेवणे आमकां थकयता म्हळयार कितें ? हांव अशें करतां. फाल्यांच दरबार भरयतां आनी जाहीर करून सोट्टां. जो कोण ह्या शेवण्याक धरून दिता ताका आमी पांच हजार रूपयांचे इनाम दितले.

तीनूय शिपाय : तशेंच करात म्हाराज. आमच्या म्हाराजाचीं तकलीं म्हळयार!

राजा : उलोवंक नाकात. कामात लागात पळोवंया. दवंडी दियात.

पड्डो.

(दुसरो दीस. सुमार सांजेचीं चार वरां. राजा दरबारांत शिंवासनाचेर बसलां. मानाप्रमाण प्रधान इतर मंत्रीय बसल्यात.)

राजा : प्रधानजी,

प्रधान : जी म्हाराज,

राजा : प्रधानजी, म्हाका एका प्रश्नाचे उत्तर जाय आशिल्लें.

प्रधान : म्हाराजांनी प्रश्न विचारचो. उत्तर सोदपाचो आमी यत्न करतां.

राजा : पैरचीं खबर तुमी जाणाच म्हणा. तें शेवणे अशें कित्याक म्हण्टालें ' म्हजेकडेन आसा ते राजाकडेन ना ?

प्रधान : म्हाका दिसता हें आमी पंडित शाणूबाबांक विचारचें.

१ मंत्री : बरोबर. म्हाराज, पंडिताक आपोवणो धाडचो. ताबडतोब दरबारात हाजीर राव म्हणून.

राजा : पंडितजीच आयलें पळयात हांगा. शंबर वर्सा आयुष्य तुमकां.

नांव घेवपाक आनी रोखडेच हजर तुमी.

पंडित : (येवन मुजरो करता.)

राजा : बसात मात्शें पळोवया.

पंडित : (बसता) म्हाराज कित्याक याद काडली गरिबाची ?

राजा : हें पळयात तुमी जर शेवण्याक धरून दिलें जाल्यार रोखडे श्रीमंत जातलें.

पंडित : हांव कसो धरूं ताका ? तुमच्या सगळयांच्या हातार तें तोरी दिता.

राजा : बहुतेक ताचेकडेन जादू आसा जावपाक जाय. कारण 'म्हजेकडेन आसा तें राजाकडेन ना' अशें म्हणटा.

पंडित : म्हाका दिसना, तें जादूच्या बाबतीत उलयताशें. दुसरें कितेंय पूण आसपाक जाय.

राजा : दुसरें कितें तरी आसपाक जाय. (चिंतता).

पंडित : (थोड्यावेळयान) म्हाराज, म्हाका दिसता तें पाखट्यां संबंधान म्हण्टा जातलें. कारण म्हाराजाकडेन ना अशें कांयच ना. फकत पांखटे ना.

राजा : एकदम बरोबर तुमचें पंडितजी.
(शेवणे लिपिल्ल्या जाग्यारसून हांसत भायर येवन वयर खांचीत वचून बसता.)

राजा : शेवणुल्या, तू कित्याक हांसलें ? पंडितजींनी तर उत्तर बरोबर दिलां म्हज्या प्रश्नांचे.

शेवणे : हांव म्हण्टा तें हेंच म्हाराज. तवलेंत आसल्यार दवलेंत येवपाचें न्हय ? ह्या पंडिताचो वयलो मजलो सामकोच रिकामो आसा.

राजा : बरें आता तूच सांग म्हजेकडेन ना पुण तुजेकडेन आसा अशी खंयची वस्त ?

शेवणे : शाणेंपण म्हाराज.

राजा : तें कशें ? ओगीच सांगता तूं.

शेवणे : म्हाराज, म्हाका ओगीच फटिंगपणा सांगपाची ना. तुमचेंकडेन म्हजेइतलें शाणेंपण नाशिल्ल्यान तुमचें तावडितल्यान हांव दर पावट सुटलें. खरें मूं ? हांव दिसूंक एदेशें आसा, पुण बुद्दीन

तुमच्यापरस खर आसा. हें हांवें तुका सांगले जाल्यार तूं म्हाका जितेंच मारूंक तयार जालो.

(भायल्यान दोन गोंसाय गायत वतात. पद.)

गोंसाय : पैशाफाटल्यान लागल्यार तुजें जिवित जातलें पॉल ।
दि रे पापया मनश्या इल्लें गुणांक मात्शें मॉल ।
मूर्ख, मस्ते लोक भोवतात गळयात घालून हार ।
गुणी, शाणे सुर्ते भोवतात सोदित आज़ आदार ।

राजा : खरें तुजें.

शेवणे : राजा, हे लोकांनी तुका सांगले की हांवे तुमकां म्हजेवरी पाखटे ना अशें म्हळें. म्हाराज, आज विज्ञानाक लागून मनीस कितलोसोच फुडें पावला. आमी पाखट्यांनी उड्डात, तर मनीस विमानात बसून उडतात. आज तो मंगळाचेर आनी इतर ग्रहांचेर सुध्दा पावलो. तरेक तरेचे शोध लावन आपले जीवित सुखी केलां हें तुमी पळेतातच.

राजा : तुजें म्हणणें खरें आसा.

शेवणे : राजा, तुवें म्हाका धरपाक बक्षीस दवल्लें. हांव तुमच्या हातात सांपडलेंय बी. पुण देवाच्या कृपेन आनी म्हज्या हुशारेन तुमच्या तडाख्यातल्यान सुटलेंय बी. तूं म्हाका बंदखणींत उडोवक तयार जालो. हांव ल्हान आनी गरीब म्हणून येदोळ ते गोंसायान पद म्हळें. तांचें तुवें कितें केलें ? हांव गरिब म्हणून म्हाका तू बंदखणींत उडोवंक तयार जालो. बांयचे तोंड कोणी बांदीत, न्हंयेचें कोण बांदतलो ? हे तुगेले चाकरमाने म्हाका धरूंक शकनात ते राज्य कितें सामाळटले ते तूंच विचार कर.

राजा : खरें तुजें. बरें आता हांव तुका कसलोच त्रास दिना. पुण तूं म्हजेकडेन राव. फाटलें सगळें विसर. हांव तुका सुंदर बरो भांगराचो पांदरो दिता. तरेकतरेची फळफळावळ दिता. रावता तूं म्हजेसरीन ?

शेवणे : म्हाराज भांगराचोय जाल्यार पांदरोच तो. खंयच्याच हांयसाक लागून म्हजी स्वतंत्रताय हांव वगडांवक सोदीना. आनी ह्या निर्बुद्द लोकांच्या संगतींत म्हजो जीव घुस्मट्टलो. शिवाय म्हज्या

जिवाकय हांगा भंय आसा. राजा, तुका फकत शिटकावणी दिंवक हांव रानातसून हांगा आयिल्लें. म्हाराज, म्हजें काम जालें. चल्लें हांव म्हज्या घरा. नमस्ते.

❑❑❑

# मास्तर मेळ्ळो

(स्थळ : घर. दोग भाव. व्हडलो ३० वर्सांचो दुसरो २२ वर्सांचो. व्हडलो लग्न जाला. संवसार आसा. मात्सो मालक्रियाद. बायले सांगणेन चलपी. दुसरो आंकवार. व्हडल्या भावाचेर खूब माया करपी. सामको सादोभोळो. कष्टी. दोगूय भाव उबे आसात. सरपंच कदेलार बसला आनी वांटणी करता.)

**दादा** : करूंया मरे वसंत आमी वांटणी ? मागीर आनीक किरकिर नाका. तुजें कितें म्हणणें तें आतांच सांग.

वसंत : दादा, हांव आनी कितें सांगतलों ? बाबा गेल्याक तुंवेंच

म्हाका सांबाळ्ळा, म्हाका आनीक कोण आसा तुज्याबगर ? तू म्हण्टा म्हणून ही वांटणी करपाची. तूं किते करता तें म्हाका मान्य. कारण तूं जें कितें करतलो तें म्हज्याच बऱ्याक!

दादा : बरें तर. हांव करता तें मान्य म्हणटा न्हय तू ? (सरपंचाक) ताचें कांयच ऑब्जेक्शन ना हें आताच ताणे कबूल केलां तें आयकलांच न्हय तुमी ? करात वांटण्यो.

सरपंच : बरें तर. करता, तुमगेले इस्टेटीचे कागदपत्र आनी (वळेरी) म्हजेकडेन दियात.

व्हडलो भाव : हे घेयात कागदपत्र. (दिता. सरपंच घेवन बारीकसाणेन पळयता.)

सरपंच : (कागदां पळोवन जातकीच) पयली घराची वांटणी करता. ह्यो दोन कुडी तुका आनी ह्यो दोन कुडी वसंताक. बलकांव आनी मदलें साल रासवळ आसूंदी. दोगांयकय वापरूंक मेळटलें.

दादा : बरें. आता शेताची वांटणी जांवदी.

सरपंच : तुज्या बापायलें खाऱ्यांत दोन वांवा आनी खाजनांत एक वांव शेत आसा न्हंय ?

दादा : हय. बरोबर सांगलें तुमी.

सरपंच : खारें शेत दोगूय एक एक वांव घेयात. खाजनात तुमच्या वांट्याक एक एक शिरकोणी येतली. बरोबर मरे वसंत ? तू कांयच उलयनासो ?

वसंत : हांव आनी किते उलयतलों ? तुमी आनी दादा सगळें जुस्ताक जुस्त करतात. हांव पळेना तर ?

सरपंच : आता वस्ती आनी आयदनां वांट्टां. ही सरपळी ५ पोवनांची आसा.(हातात घेवन जोखता. आनी कांकणांय पांचच पोवनांचीं आसा. आता कशें करचें ?

दादा : कांकणा म्हज्या बायलेक दियात, तिज्या हाताजोखती आसात तीं.

सरपंच : अशें ? (दिता) हीं घे तुका कांकणां आनी तू घे ही सरपळी (वसंताक दिता). जालें मरे वसंत?

वसंत : तें आनी विचारपाक जाय ? तुमी दोगय जुस्ताक जुस्त करतले

तें हांव नकळो तर ?

सरपंच : ही एक शेनरी तुका आनी ही दुसरी तूं घे. (दोगांकय दिता. दोगूय घेतात.)

(भितर राधावयनी वसंताची भावज हळूच घोवाक कुरू करता. दांत ओंठ खाता. दोळे मोट्टे करून घोवाक धपंकायता.)

दादा : वसंत, मात्शी भितर वचून सरपंचाक इल्ली च्या हाड पंळोवंया. खावपाकय कितेंय लाडू बी हाड.

सरपंच : आसूं रे. हांव सकाळी च्या घेवनच आयलां हांगा. करूया वांटे.

हीं आयदनां तुका आनी हीं आयदना तुका रे वसंत. (वांटे करून दवरता ).

(राधावयनीचो भितरसून आवाज 'च्या जाली आंऽ मात्सो वसंत भावजीक धाडात भितर'.)

दादा : चल रे वसंत, सरपंचाक च्या हाडून दी. (वसंत च्या हाडूंक भितर वता. दादा बेगीबेगीन सरपंचाच्या बोल्सांत १०० च्यो ५ नोटी घालूंक वता. सरपंच वेल्याचाराक 'नाका नाका' तोंडान म्हण्टा. पुण फाटले वटेन हात करून घेवन बोल्सांत उडयता.)

दादा : (हळूच) आतांची वांटणीं म्हाका फायदो जाता तशी करात आंऽऽ.

सरपंच : तें आनी सांगपाक जाय ? पावलें म्हजेर. सूर रोंट पट्टा देवंचार ओट्टां आता जुस्त करता हांव. भियेंव नाका.

वसंत : ( च्या आनी शिरो घेवन येता. ) दादा, वयनीन हो शिरोय केला मुद्दाम.)

सरपंच : कित्याक इतले त्रास घेवपाक जाय आशिल्लें ? खरें म्हणजे अशी वांटणी बी करूंक वता तेन्ना हांव कोणागेर कांयच घेना.

दाव : (गडबडीन स्टूल फुडें करता.) हाड हाड. दवर ह्या स्टूलार.(सरपंचाक) पयलीं च्या घेयात न्हिवतली ती. मागीर करात वांटणी.

वसंन : आनी शिरोय खावपाकच जाय आं ऽऽ.वयनीन मुद्दम तुमचेखातीर केला बरे खिसमीस, बदाम बी घालून. आमगेल्या

वयनीलें खाण जेवण सामके रूचीक. सामके तोंडातले सोडूं नजो अशें. खावन तरी पळेयात.

सरपंच : हांव केन्नाच शिरो खायना, पुण तू इतलो आग्रो करता म्हण एक कुलेर मारून पळेता. (शिऱ्याक कुलेर मारून पळेता. च्या पिता.)

वसंत : हो तो कोणाक दवल्ला ? सगळोच खांवक जाय. नाजाल्यार वयनीक वायट दिसतलें.

सरपंच : पुण कितली भल्ल्या रे ती बशी ?

वसंत : आमच्या वयनीचो हातूच घसघशीत. तिज्यान थोडे म्हणून वाडूं नजो.

सरपंच : रागार जांवक नाकात. मागीर केन्नाय येन हांव. आता जर शिरो खायत बसलो हांगा तर मिटिंगेक वचपाक वेळ जातलो म्हाका.

दादा : खोशी तुमची. हांव आनी कितें सांगतलो ?

सरपंच : बहुतेक सगळी वांटणी जाल्ल्यांत जमा. फकत आता उरता ती दुदाची म्हस आनी ही कांबळ. (स्वगत. कशी करची वाटणी ? येवजिता - येवजिता. मोट्यान.) हय. हय अशीच केल्यार बरी. जाणामरे, ह्या म्हशीचें तोंड वसंत तूं घे आनी बाकी धड तुज्या दादाक दितां.

वसंत : (अजापून) अशें कशें जातलें ?

सरपंच : म्हणटकीच कितें म्हस मदी चिरून दोगांकय दिव जाल्यार तशें सांग. म्हजे कितें वता ? म्हस तुमचीच मरतली. म्हाका सुखय ना आनी दुःखय ना.

दादा : तुंवेंच न्हंय रे एदोळ सांगला करता तें मान्य म्हणून. हांवे तुका पयलींच विचारूंक नाशिल्लें ? हेदोळच्यान सगळें बरें मान्य केलें. आताच खंय कोले शिंकले ?

सरपंच : कोले शिंकू नाजाल्यार वागूय शिंकू. म्हाका समजता तशो हांवे वांटण्यो केल्यात. तुमकां मान्य ना जाल्यार तुमचें तुमी पळोवन घेयात. हांव चल्लो. म्हाका खूब कामा आसात. अतां पयलीं मिटिंगेक वचपाक जाय. उलय कितें तें. फाटल्यान

285

मागीर किर किर नाका.

दादा : उलय, उलय. सरपंचाक वेळ जाता. ताका धा वरांचेर मिटींग आसा. वेळ खांवक नाका ताजो.

वसंत : (ओगीच रावता).

सरपंच : आतां उल्ल्या ही कांबळ. ही दिसाची वसंत वापरतलो आनी रातीची तुंवें वापरपाची. जाली वांटणीं. बरें करून रावात तुमी. येता हांव. गरज पडल्यार परत मेळात म्हाका. वेळ जाता. धा जांवचीं जालीं. वेळार मिटिंगेक पावंक जाय. येता हांव. बाय बा ऽ य. (ताकतिकेन वता)

वसंत : (तकलेर हात घेवन बसता)

दादा : तकलेर हात घेवन कितें बसला ? च्याची कोपां बी भितर व्हरून दवर. (राधा येता)

राधा : कांय गरज ना. कोपा हांव व्हरतलीं. सरपंचान सगळें वस्तूंचे सारके वांटे केल्यात. ताजो वांटो घेवन बसुंदी ताका. आमचे आमी पळोवयां. इतलो तेंप फुकट म्हज्या हत्यार बसून खालां तितलें पुरो. जाय आसल्यार जेवीत रांदून. हे फुडें हांव ताका गोटो घाली सारकी आं.

दादा : आयकलें मरे ?
(वसंत ओगीच रावता)

दादा : तुज्या वांट्याची आयदनां उबार हांगासल्लीं. हीं कुड म्हज्या वांट्याची आसा. (वसंत दोळे पुशीत आयदनां उबारता) इतलो तेंप मजा केली तितली पुरो. आत्तां कामाक लाग. बेठें जेवंक मेळना. तूं जेवन त्या म्हशीक मात उपाशी उडयशी. तिका तण बी घाल. उदक दाखय. तोंड तुज्या वांट्याचें आसा. जबाबदारी कळपाक जाय तुका मात्शी. (वता)

वसंत : (निरुपायान भितर वचूंक वतां. दोळे पुसता. ताका हुडको येता.) आज बाबा आसल्यार अशें जावचें नाशिल्लें. आमी एकठांय काम करून खातले आशिल्लें. बाबा ऽऽऽ (रड्टा. सावशीद जावन थोड्या वेळान भितर वता.बांयचे उदक हाडून तोपांत ओतता. तोप म्हशीफुडें दवरता.) पी बाये उदक. (तण

KONKANI CENTRE

घालता तिका सांसपिता). खा गो, हें तुका. सांजेचें तुका बरें हरवे तण हाडून घालतां. आता आसा तें खा तूं. म्हज्यान रानूकय नज. तकली सामकी उसळूंक लागल्या. तकलेक वालो घट्ट बांदतां आनी न्हिदतां. रांदून जेव खंय. जाय कोणाक हांगा जेवण ? पोट सामके भरून आयलां उतरांनीच. नशीब म्हजे. (वता).(पड्डो.)

प्रवेश दुसरो

प्र. २ रो : (वेळ : सांजेचो. सुमार २ ते ३. वसंत कळसो घेवन येता. म्हशी फुडल्या तोपांत ओतता. तोंड सामकें बावलां. तकलेक वालो तसोच आसा. म्हशीक सांसपिता. एकेवटेन दोळे पुसता. इतल्यान व्हडलो भाव भितरसून येता. वसंताक पळोवन)

दादा : पुरो. पुरो. सुकी अपुर्बाय. म्हाका मात्शों दूद काडूं दी. कडेक सर थंयचो. सांजेची तिका वरण हाडून घाल.

वसंत : (स्वगत) म्हाका हाणे कितें जाता म्हणून सुध्दा विचारूंक ना. हाका म्हशीच्या पोटाची काळजी आसा. म्हजी मातूय ना. मनीस कितले बेगीन मोग विसरता ? कसो रोकडोच बदलता.कांयच समजना.

दादा : अजूनय तू खुंटो कसो थंयच उबो ? हरवंण केन्ना हाडप तीं ? असल्यांनी तू म्हशीक मारून उडयतलो. चल थंयचो. आगो आयकलां ! कासांडी हाड मात्शी. इल्लें दूद मेळटा जाल्यार पळेतां.

(वसंत दोळे पुशीत भितर वता. दुसरे वटेन राधा येता आनी कासांडी हाडून दादाच्या हातातं दिता.)

राधा : ही घेयात.

दादा : तूं हांगाच राव मात्शी. हांव दूद काडून हाड्टां. (वता)

राधा : जांव इतले वर्सांनी मनासारकें जालें. बाबा दोळे धांपताच काय म्हणून पळेतालीं हांव. पुरो चार वर्सां वनवास सोसलो. आता कोणाचो धबाडको ना. राजा राणयेचो संसार. हाड गो मोचो दोगांय नाचों. जाय तेन्ना कुळारा वचपाचें. जाय तेन्ना येवपाचें.

(दादा दूद घेवन येता. राधा भितरसून कोपां हाड्टा. दोनी कोपां भरता. दोगांय हांसत हांसत पियेतात.)

दादा : काडचे काडिल्लें धारोष्ण दूद एकदम सुरबूस लागता. न्हंय गो? आनी एक बरें आसा. म्हशीचे कष्ट काडपाचे नात. फक्त दूद काडपाचें.

राधा : म्हजी बुद्द म्हणून म्हस मेळ्ळी. तुमची बुद्द जाल्यार केलां तुमी वाटोळें.

दादा : हय गो तशें तूं हुशारच. बरें केलें तुवें. नाजाल्यार म्हशीचे कष्ट म्हाकाय काडचे पड्टले आशिल्ले. आता सुसेग. दूद काड जाय थंय वच. आसाच तें पिसांट कष्ट काडूंक.

राधा : पयलीपसून म्हजें आयकल्लें जाल्यार येन्ना चार पैशे पदराक आसपाचे आमच्या. तुमचे दोळे आता उगडल्यात. भेंड सामके मोडून गेलें म्हजें आज ४ वर्सा हे घराचो घश्टो घश्टून. हांव रानताली तेन्ना पानार बसून बरो तीन त्रिकाळ गिळटालो. आज आपल्याचेर जबाबदारी पड्टकीच जेवण खाण कांय नाका जालें ताका.

दादा : म्हणजे तो अजूनय रांदून जेवक ना ? उपाशीच आसा तर ? तुका कशें कळ्ळें ?

राधा : हांव रानचे कुडीच्या बिळक्यांतल्यान ताका पळेतालीं. तकलेक एक वालो बांदला आनी हांतुणार पडला थंय लोळत.

दादा : तशें जाल्यार आमीं ताका एक कोपभर दूद दिंवया. कसोय जांव तो. आपूण उपाशी रावन म्हशीक तण घालून उदक दाखयलां. आमकां उणें जावपाचें ना. दिंवया ताका इल्लें.

राधा : (तापून) कांयच गरज ना. इतलो तेप म्हज्या हड्ड्यार बसून खाला तितलें पुरो. पोळ कसो मातला पळे.बाबा दोळे धांपताच काय म्हणून पळेताली हांव. आता सारको निवळायतां ताका. ना ताका घरातसून धांवडायलो तर नांवाची राधा होनी न्हंय हांव.

दादा : आगो, अशें म्हणूं नाका. बाबाक वयर वायट दिसतलें. बाबाचो अपुर्बायेचो तो सामको.

राधा : म्हणूनच तुमी माथ्यार बसयला ताका. अपुर्बाय करून करून आयतें गिळचें आनी मात्शो शेतात वच्चें, जालें. म्हज्यान आता ताजी सेवा जायसारकी ना. ताका पळेल्यारच म्हजी तकली उसळटा सामकी. तुमी बसात ताका वेंग मारून अपुर्बाय करीत. हांव चल्लीं कुळारा.

दादा : नाका. नाका. चुकलो हांव. तूं म्हणून हें घर. हांव ताजे परते केन्नाच नांव घेना. आता तरी जालें न्हय? गेलो राग ? हांस पळोवंया मात्शी.

राधा : पुरो. पुरो. चलात पळोवंया भितर. म्हाका काम आसा. (दोगांय वतात). (पड्डो.)

प्रवेश तिसरो

राधा : (बॅग भरून कुळारा वचपाच्या तजविजेन येता) आयकलां! आठ दीस बाबाम्हऱ्यान रावन येता . आई केन्नाच्यान रकादार रकाद धाड्टा खय. आसा धुवांचेर सामको जीव तिजो. आयकलां ऽऽ.

दादा : (भितरसून ओ ऽ ओ आवाज येता.येतां ऽऽ. येवन) कितें गो ? आज सकाळफुडें भायर सल्लां तें कितें ? लग्नबी आसा काय कितें खंय?

राधा : लग्न आसल्यार व्होंवळिक पत्र येंवचे नाशिल्लें तर ? हें पळे हांव चार दीस कुळारा रावन येतां आईमऱ्यान.

दादा : तूं वता ? मागीर इतल्या दुदाचे कितें करपाचें तर ?

राधा : तुमकां बुद्दच ना. अशें करात तुमी. म्हस काय आता दोन वेळचें दूद दिना.

दादा : पुण एकदा तरी दिता न्हंय ? तें काडूंक नाका ?

राधा : तेंच सांगता. तुमीच शिताफुडें मीठ खातात.

दादा : बरें सांग तूं.

राधा : तुमी अशें करात.म्हजेबरोबर तुमीय चार दीस येयात. हांगा येवंक सकाळची गाडी आसा. पयले गाडयेर येयात. दूद काडात आनी मागीर घेवन तशेच थंय येयात. म्हण्टकीच तुमचेय जेवणाचो प्रश्न मिटलो आनी म्हाकाय हुस्केमेकळे चार दीस

आईम्हऱ्यान रांवक मेळ्ळें.

दादा : खरेंच गो तूं बुदवंत ! तशेंच करतां. राव तर. हांवय येतां बरोबर.कपडे करून येतां. (वता).

राधा : बेगीन येता कोण ? बरो म्हयनोभर रावतली हांव. हांका आता अशेंच मुठीत दवरपाचे.

दादा : (येता) आयलो हांव. या न्हंय ? (दोगांय वतात) पड्डो.

प्रवेश चवथो

(स्थळ :- बल्कांव. वसंत वण्टीक तेंकून बसला. ताजें तोंड सामकें बावलां. शून्य नदरेन पळेत बसला. स्वतःचे घरच ना. चिंतनाच उलयता.होनी पयली काय बरें करताली म्हाका ! बाबा वचून तिका कितें जालें कोण जाणा ! सगळीच घुसपट जावन गेल्या आमची. दादा तर एकूय उत्तर उलोवंक तयार ना.पयली हांव ताजेबरोबर पंगतीक जेवक नासल्यार ताज्या ताळयासकयल उंडी देवं नासली. आनी आतां कितलो बदलला. ताका याद सुध्दा जायना म्हजी ! (इतल्यान एक सोयरो तांगेर येता. वसंताक हटकिता. वसंत आपलेच तंद्रेत.)

सोयरो : वसंत ? कितें रे ? वसंतच मरे तूं ?

वसंत : (सिंतितार येत ?) आं ? हय.

सोयरो : आरे कितें चिंतता येदोळच्यान आनी कितें बडबट्टा ? (बारीकसाणेन पळेता) सामको जालो मरे तूं. जिवान बी बरो आसा मरे ? जाता पुणून कितें तुका ?

वसंत : (सारको शाबुतीर येवन) कांय ना. कांय ना. यो मामा. (हांसत) यो असो भितर.पयली इल्ली च्या घे मागीर उलोवंया.

सोयरो : कितें रे कोणाची जाग ना शी ? वयनी खंय रे तुजी ?

वसंत : तीं दोगांय घरा नात. कुळारा गेल्यांत तीं रावंक.

सोयरो : तशें जाल्यार हांव वता तर.

वसंत : मामा, राव तूं सांजे दोगय मात्शो खबरो मारूंया जेवन खावन. रोखडे जेवण करता हांव. (दोगूय वतात.) (पड्डो)

तिसरो प्रवेश

(दुसरो दीस. सकाळ. सोयरो वचूंक भायर सल्ला. वसंत

पांवक येता भायर. इतल्यान उगडास जाल्ले भशेन करता.) राव आ मामा. भितर वचून म्हशीक इल्लें तण घालून उदक दाखयता. दुदाचो वेळ जाला तिच्या.

सोयरो : (अजापून) तुजेकडेन म्हस आसा ? तीय दुदाची जाल्यार तुवें म्हाका फुटी च्या कित्याक दिली तर ?

वसंत : मामा, म्हशीचें तोंडच म्हज्या वांट्याक आयला. हांवे तिका खांवक घालप. आनी उदक दाखोवप. दूद दादोजी काड्टा. शेण - मूतय तोच शेताक वापरता.

सोयरो : आं ? कितें सांगता रे तू ? तकलेन बरो आसा मरे ?

वसंत : मामा, खरें तेच सांगता हांव.

सोयरो : अशें कशें ?

वसंत : वांटणेत तशेंच म्हळा. तेचप्रमाण करचें पड्टा.

सोयरो : ही असली वांटणी कोणी केली तर ?सरपंचाक आपोन करपाची न्हंय वाटणी ?

वसंत : सरपंचानच केल्या ही वांटणी.

सोयरो : कितें ! अजापूच मरे ! आनी ही वांटणी करताना तूं खंय आशिल्लो तर ?

वसंत : मामा, आमी दोगूय भाव थंयच आशिल्लें.

सोयरो : तुमी जर थंयच आशिल्ले, तर तुवें कशी मान्यताय दिली हे वांटणेक ?

वसंत : कितें करूं ? निरुपायान दिवची पडली.

सोयरो : म्हणजे ?

वसंत : सांगता, सांगता. दादन जेन्ना म्हाका विचाल्लें तेन्ना हांवें दादाक सांगले तू करता ते म्हाका मान्य म्हणून.

सोयरो : बरे. मागीर.

वसंत : पयली ताणी बाकी सगळया वस्तूची वांटणी सारकी केली. घर म्हणू नाका, शेत, आयदनां, वस्ती सगळें सारकेच वाटले. म्हस आनी कामळीच्या बाबतीत मात हो असो घोटाळो केला. (कानात सांगता.) तो येवचो जालो. समजले ?

सोयरो : समजले. समजले. (थोडो विचार करता.) कितलो तेप जालो

हे अशें चल्ल्यार ?

वसंत : चार म्हयने जाले मामा हांव हे त्रास भोगतां ?

सोयरो : अशें, अशें ? बरें आता हांव सांगता तशें कर. कान कर हेवटेन. वसंत कान सोयऱ्याच्या तोंडाकडेन व्हरता. सोयरो ताका सगळें कानात सांगता.) अशें कर तू. समजलें ?

वसंत : ( खोश्शेन ) हा मामा. अशेंच करता.

सोयरो : भियेंव नाका. सगळें जाग्यार बसतलें. पोरा वाकड्या म्हेडीक वाकडे नेम काडपाक जाय. तरच म्हेड सारकी नेमान घट बसतली. करून पळे वखद. गुण येवकच जाय. मात्सो कडक वाग. बरें, वेळ जाता म्हाका. वता हांव.

वसंत : बरे. बरे. यो मामा केन्नाय असोच झाकड्यांक.(सोयरो वता. वसंत पासयो मारीत चिंतता. इतल्यान भाव आनी भावजय दोगांय येतात.)

दादा : (म्हस होंकेता तें आयकून) आरे वसंत म्हस कित्याक आड्डता? तिका खांवक घालूंक ना काय कितें ?

वसंत : घाला तर. उदकय दाखयलां तिका.दुदाचो वेळ जाला तिच्या. म्हणून होंकेता ती. ( म्हस होंकेल्याचो आवाज).

दादा : बरें तर दूद काडूंक वतां हांव. चल गो मात्शी कासांडी घेवन यो. (राधा भितर वचून कासांडी हाड्टा. दादा दूद काडपा तयारेन कपडे सारके करता).

हाडली गो कासांडी ? दी पळोवंया.( कासांडी घेवन भितर गोठ्यांत वतां वता म्हणता 'राव गो मात्शे रोखडें दूद घेवन येतां'. वसंत भितर वचून म्हशीच्या तोंडार सटासट पांच स बड्यो मारता.दादाचेर म्हस लाथ मारता. व्हडान आड्डता. 'आवय गे SS'. दादाच्या हातांतली कासांडी पडटा. म्हशीचो व्होंकेल्याचो आवाज. राधा भितर वता).

वसंत : (बडी घेवन भायर येता.) वखद केलां. गुण कसो येता तो पळोवंया.

दादा : (राधा आनी दादा दोगांय भितरसून येतात. दादाचे कपडे रगतान भल्ल्यात. तुवालोय मात्सो भल्ला.तोंडार मार लागिल्याची

खूण. तोंड सुजला. दोन दातूय पडल्यात. उदकात भिजयलेलो तुवालो तोंडार घायाकडेन धल्ला.परवंता) आवय गे आवय आवय. सोसूं नज.

राधा : कितें भावोजी भावाक सामको वयर पावयता काय कितें ? पळे कितलें रगत गेलां ते तांचे. आनी तोंड कशें सुजलां तें.

वसंत : हांवे खंय कितें केलां ?

राधा : तुवें जर म्हशीचेर बड्यो मारूना तर ती लाथांवची नाशिल्ली.

वसंत : हांवे दादाक कांयच करूंक ना. म्हशीचें तोंड म्हज्या वाट्याचे. ताचे हांव जायतें करतलों. तूं कोण म्हाका विचारपाक ?

दादा : इतलो सुबेज जालो तूं ?

राधा : तरी सांगता हांव पळेयात तुमगेल्या अपुर्बायेच्या भावाली कर्तुपां. तरी वेळ बरो म्हणून वाटावले तुमी ह्या काळाच्या तोंडातले. नाजाल्यार म्हज्यान येवजूंक पसून नज. आज सामको आखांत जातलो आशिल्लो सगळो.

वसंत : ताका म्हजो निरुपाय. तुमी जर म्हज्या जिवार उठूंक नाशिल्ली जाल्यार आज म्हाकाय तुमकां बुद्द शिकोंक नाका आशिल्ली. तकलेक पिंत चडलें म्हण्टकीच दोळयांत म्हस्काची पाती पिळची पट्टा. दोळे भगभगतात. पुण भ्रम रोखडो निवळटा. म्हाका शेतात वचूंक वेळ जाता. वतां हांव. (वता.)

राधा : चला भितर वचून न्हिदात पळोवंया आता. मात्शें बरें दिसतलें तुमका. (दोगांय भितर वतात.) (पड्डो)

सवो प्रवेश

(वेळ : सांजेचो.) वसंत शेतातसून निकतोच येता. इतल्यान दादा माथ्यावयल्यान चादर पांगरून येता. पोलो बरोच सुजला. तोंडार हात धरून उलयता.)

दादा : वसंत, मात्शी कांबळ दी रे, शीं खाल्ले भशेन दिसता. न्हिदता मात्सो पांगरून. (वसंत न उलयता भितर वचून उदक गळटा तसली कांबळ दादाच्या हातात हाडून दिता.) हें रे कितें ?

वसंत : तुवें कांबळ मागली, हांवें हाडून दिली.

दादा : पुण तातूनसून उदक गळटा मरे. हांव कशी पांगरूं ही ?

वसंत : तें तुजें तू पळे. दिसभर कामळ म्हजी. रातची तुजी. तुका जायतें कर. कोंत्रादाप्रमाणे वागलां हांव.

दादा : (बायलेक) आगो हांगा यो पळोवया.

राधा : येता. येता. कितें ?

दादा : (कामळ दाखयता.) हें पळे कितें तें.

राधा : (पळेता आनी मनात चरकावता.) भावजी हें कितें ?

वसंत : हांव कोंत्रादाप्रमाणे वागलां.

राधा : ही तुजी बुद्द न्हय. आमी नाशिल्लीं तेन्ना तुका कोणीतरी मास्तर मेळ्ळा जांवक जाय.

वसंत : तशें समज.

दादा : काय बरे आमी दोगूय कामधंदो एकठांय करून खाताले, जेवताले. तुज्यान तें पळोवंक नजो जालें. खोटी बुद्द येवजली तुका. सगळ्या संवसाराची वाट लागली तुका लागून.तुजें आयकून आज हांव त्रासांत पडलो.

वसंत : अजूनय वेळ वचूंक ना.

राधा : फाल्यांच सरपंचाक हाडात आनी परती वांटणी करात.

दादा : हय. तशेंच करता.

राधा : हय. म्हज्या मनांत कली रिगलो. आनी तुमची राम लक्ष्मणाची जोडी हांवे फोडली. भावजी चुकलीं हांव. क्षमा करात म्हाका. (पांयां पड्टा.)

वसंत : वयनी, हें कितें ? तूं व्हडल्या भावाची घरकान्न म्हणजे म्हजी आईच कशी. हांव भुरगो. हांवे तुका पांयां पडपाचें आनी तुवें म्हाका आशीर्वाद दिवपाचो. (तिजे हात सोडयता आनी आपूण पायां पड्टा.)

दादा : खरें तुजें. मनशाच्या मनात सुवराथ रिगलो म्हण्टकच तो दोळे आसूनय आंदळो जाता. फाल्यांच सरपंचाक हाडून वांटे करूंक लायता. जाल्ली चूक सुधारचीच पडली.

वसंत : दादा, सरपंच जायच कित्याक ? आनी वांटे कित्याखातीर करपाचे? आमी तरी दोगूच भाव आसात. त्या शंकर मयेकाराचीच देख घेवंयां आमी. ते सगळे पांच भाव, तांचो

बापूय गेल्यार आज पांच सात वर्सां जालीं. ते खंय सल्ल्यात वेगळे ? एकठंयच कामधंदो करून सुसेगाद खाय जेविनात ? आमच्यांनी म्हशीचे पयलीभशेन कष्ट काडून दूद तूप खांव नजो ?

दादा : बरोबर तू म्हण्टा तें. चुकलो हांव. क्षमा कर म्हाका आनी म्हज्या बायलेक. तुका आमी खूब त्रास दिलो आनी ताजें पानवळय मेळ्ळें म्हाका. दोन दात व्हगडायकीच हें शाणेपण आयलें म्हाका.

वसंत : दादा, हांवेय तुका त्रास केलो. म्हशीक उपाशी दवरून तिज्या तोंडार बड्यो मारूंक नाशिल्यो जाल्यार ती तुज्या तोंडार लाथ मारून दांत उडोवची नाशिल्ली.

राधा : हें सगळें म्हजें कर्म. तुमी दोगूय क्षमा करात म्हाका. पच्छताप भोगता म्हाका आता. कितें करूं?

वसंत : पच्छताप जावप म्हणजे मन निर्मळ जावप.

दादा : वसंत आमकां दोगांयकय व्हड मनान क्षमा कर. म्हजे बेगसार दोळे उगडले तुवें. जाल्लें जावन गेलें. हे फुडे आमी पयलींभाशेन एकठांय रावंया. आनी कामधंदो करून खावंया. (दोगूय एकमेकांक वेंग मारतात.) (पड्डो.)

❑❑❑

# थँक्यू मिस्टर माकडमाम

( वेळ :- फांतोटेचो. स्थळ :- रानची कूड.)

(एक बुकलो रांदचे कुडीत उडी मारून येता. तो सामको भुकेल्लो आसता. दबिल्या आवाजांत म्यांव-म्यांव करून हेवटेन तेवटेन कितेंय मेळटा काय म्हणून सोदता आनी सगळयाक वास घेवन पळेता. इतल्यान दुसरो बुकलो म्यांव-म्यांव करीत येता. पयलो बुकलो ताका धपकायता.)

**१ लो बुकलो :** (दबिल्या आवाजांत) आरे पापया हळू. केद्यान आड्डता तूं म्यांव-म्यांव करून. मातूय कशी अक्कल ना तुका ? लोक जागे जायत जाल्यार कड्डे पट्टले आमच्या फाटीर.

२ रो बुकलो : चुकलों सायबा चुकलों. खरें रे पापया तुजें. म्हज्या पोटांत सामको उजो पेटला. ताकालागून चिरकायच उल्लिना म्हाका.

१ लो बुकलो : तुज्या पोटांत उजो पेटला आनी म्हजें पोट कितें थंड आसा तर ? दोगांयचीय तरा एकूच आसा.

२ रो बुकलो : म्हटकीच तूंय म्हजेचवरी उपाशींच आसा तर ?

१ लो बुकलो : मागीर ? आज तीन दीस जाले. हे घरांतलीं मनशां तीन त्रिकाळ बरीं भकतात. आनी आमकां उंडीभर सुध्दा वाडीनात. अधर्म न्हय हो ?

२ रो बुकलो : अधर्म आनी सतधर्म उपेग कितें ? आज तीन दीस जाले. मावशीबायन सामके कडक धोरण धरलां. आमकां अजिबात घरांत घेवप ना.

१ लो बुकलो : कशेंय जांव रे. आमकां दोन वेळचें जेवण वाड्टाली ती. आता तेंय गेलें.

२ रो बुकलो : वाड्टाली तें आमच्या मोगान न्हंय. हुंदीर धरूंक आमकां शक्त जाय म्हणून वाड्टाली. आमी येंवचे पयलीं खंय हुंदरानी तिका सामकी सतायल्ली. टोमाटां-बटाटां, शेनऱ्यो, कुलचावां, उशीं कितें आनी कितें म्हणून ना. मावशीबायली नवी करकरीत दोन कापडां आनी दोन नवेताल्ल पोलकेय खाल्ले तांणी. देखून तिणे आमकां हाडले.

१ लो बुकलो : हय. खरें तुजें. आमकां बरेंच करताली ती. आमकां आवड्टा म्हणून आपुण पिता आसताना इल्लें दूदय आमच्या कपाळार घाली ती. मांडयेर घेवन सांसपिताली.कितली अपुर्बाय करताली ती आमची!

२ रो बुकलो : फकत सुकी अपुर्बाय मरे ? दूद घाली खंय? दूद खंयचें? दुदाचो तोप विसळून फकत उदकच घाली आमकां ! आपुण मात बरी व्हडलें कोप भरून दूद पिताली !!

१ लो बुकलो : बरें, दुदाची खबर सोड. शीत, चपाती, पाव तशेंच नुस्त्याचे कांटे आनी शेंशट्यो तरी घाली मरे ? खावन ओगी ना म्हणचें न्हय. फाल्या राम म्हणूंक वाचा जाय आमकां !

२ रो बुकलो : पयरूच मावशीबायले खोंटेन राम म्हणपाचो तूं ! मात्शी चुकली

ती खोंट. सारकी बशिल्ली जाल्यार तकली वण्टीक आपटून भेजो भायर सरपाचो तुजो !!

१ लो बुकलो : भुकेन वळवळचे परस तें जायतें बरें आशिल्लें रे ! सुट्टलों तरी आशिल्लों एकदम.पैरच्या खोंटेन अजून मेरेन आंग दुखता थंयच आसा. आवय- गे SS आवय - आवय आवय SSS हं SSS.

२ रो बुकलो : याद करतकच आता तुजें आंग दुखपाक लागलें ? नित्तो न्हंय रे तूं मावशीबायक तोखेतालो !! तरी पापया खोंटेनच सुटलो तूं ! नशीब म्हणून समज. जिवार आयिल्लें तें बोटाचेरच गेले पळे. मावशीबाय मागीर कोलती घेवन आयिल्ली आमच्या तोंडाक लांवक. हांवे माळयार लिपून हळूच पळेंलें. तू पळळो म्हणून सुटलो. जर काय आमी तिज्या तडाख्याक सांपडल्यात तर ती आमचें जुस्त कुंडण करतली आसली.

१ लो बुकलो :तशें पळेल्यार तिजो तितलो अन्याय ना. आमचेंय मात्शें चुकलेंच तें. आमी तव्यावयलीं पोस्तां घेवन धांवपाचें न्हय.

२ रो बुकलो : (तापून) हय वय. आमी फक्त वास घेवपाचो, अशेंच न्हय? कांय ना. आमचें कांयच चुकूंक ना. तिणे जर समजून आमकां इल्लो इल्लो कुडको खांवक दिल्लो तर आमी तितल्यानच धादोस जातले आशिल्ले. केन्नाच तिगेल्या पोस्तांक तोंड लांवचे नाशिल्ले.

१ लो बुकलो : इल्लो इल्लो कुडको दिवंक तो कितें बांगडो तर ?

२ रो बुकलो : बांगडो तरी खंय सुट्टा रे तिच्या हातांतल्यान ? ती खायत कितलें नुस्तें ! उक्त्यांत कावळो आनी बुक्त्यांत बेबूक पसून चलता तिका. सर्वभक्षी मरे ती ! आमी केलें तेंच योग्य.

१ लो बुकलो : एके वेटेन तुजेंय फट म्हणूं नजो ! करता खरें ती अशें.

२ रो बुकलो : तरी बरें. मावशीबाय माजराचें मांस खायना. नाजाल्यार आमचेर हावळ आशिल्लीच.

१ लो बुकलो : खरें रें खरें तुजें. तव्यार तळत घाल्या पालवाचो सुरबुस बरो वास सुटलो. जीब सामकी हुळहुळी म्हजी नाखांत वास वतकीच. गेलों आनी फाटलो फुडलो विचार करी नासतना तव्यावयलो कुडको उबाल्लो.

२ रो बुकलो : तुंवें कुडको उबारतकीच हांवे आनी वेळ केला ? सोमते तव्यावयलो

पोस्त घेवन जनेलांतसून भायर उडी मारून सोडली. मनात म्हळें कितें जाता तें जांवदी हांव भायर पावलां मात, इतल्यान मावशीबायची स्वारी हजर जाली.

१ लो बुकलो : हांवे तरी इल्लोसो कुडको व्हेल्लो, तुंवें सबंद पोस्त घेवन पपा काडली. आनी खोंट मात हांवे खाल्ली. अजूनय आंग दुखता सामकें रूं कशें. हाय ऽ आवय गे ऽ !

२ रो बुकलो : तूं पयलीं अबर्गत. चोरता जाल्यार व्हडलें पोस्त तरी चोरपाचें म्हजेवरी आनी पळपाचें. आरे चोरूंकय बोड जाय. हांवे विचार केलो ' चोर म्हणून नांव, रितें कित्याक जांव' ? म्हणून पोस्तच व्हेलें.

१ लो बुकलो : पुण तूं सुटलो आनी हांव सांपडलों. मावशीबायन तुजोय राग म्हजेरच काडलो.

२ रो बुकलो : तूं थंयच रावलो म्हणून सांपडलो.

१ लो बुकलो : म्हाकाय पळपाचें आशिल्लें पुण पालू हून लागलो. जीब सामकी हुलपली, म्हणून मात्शी न्हिवोवंक रावलों. तू मात काळाचो ! तुका हून बी कांयच लागलेंना.

२ रो बुकलो : शाब्बास ! फाट थापडपाची तुजी पेटण्यान ! आरे तुका जसो हून लागलो तसो म्हाकाय लागलो. पुण फुडलो विचार करून हांव सोंसून घेवन धांवलो. हांवे थारायिल्लेच तोंड हुलपल्यार कोंताक येता. पुण पालू फारायतलों म्हणजे फारायतलोंच. ते जांव. पालू बरो सुवादीक आशिल्लो. जीबेर उल्लो न्हय रे !

१ लो बुकलो : पालवाचो सुवाद थोडोच वेळ जिबेर उल्लो. पुण आता फुडे कशें? मावशीबायन तेदुसच्यान आमचे जेवण बंद केला. दोन दीस कशेय काडले. आज मात पोटांत सामके चुळचुळां. जीव कासावीस जाता.

२ रो बुकलो : बरोबर तुजें. हांवय तेच खातीर आयलां न्हय ? फकत भंय दिस्ता कोणी जागो जावन आमचीं हाडां सदळ करीत म्हणून.

१ लो बुकलो : आरे, भियेवन कशें जातलें ? जीव तर तगोवंक जाय, म्हण्टकच आयिल्या प्रसंगाक धिरान तोंड दिंवचे पडलेना ? राव सोदूंया कितेंय मेयटा जाल्यार.

२ रो बुकलो : आरे, मावशीबाय ती. सगळें बरें गडगच्च धांपून मागीर न्हिदतली, पुण आमी कितेंतरी प्रयत्न करूंक जाय. नाजाल्यार भुकेन अशेच वळवळून मरतले.

१ लो बुकलो : आतां तू आसा न्हय रे मदतीक. आतां आमी दोगूय मेळून सोदूंया. प्रयत्नांती परमेश्वर म्हण्टात न्हय ? पळोंया सोदून कितेंय खांवक मेळटा जाल्यार. (दोगूय सोदतात) (सगळयाक वास घेवन पळेतात. (निर्शेवन) शी रे बाबा ? कांयच मेळना. पोटांत सामके कावळे रडपाक लागल्या कितें करूंया ? कितें म्हणून खांवया ? कांय ना रे हांगा. वतां हांव.

२ रो बुकलो : राव मात्सो. कितेंय मेळटा जाल्यार पळोंवया. मात्सो थार धर. (सोदता) आरे, हो तो पळे रे तोप.

१ लो बुकलो : हय रे हय. ताजेवयलें धांपणे काडून पळोंवया. कितेय आसा जाल्यार भितर.

२ रो बुकलो : हय रे हय, हांवय येतां मदतीक.

१ लो बुकलो : सामाळून आं ऽऽ. सवका सवका काड. आवाज बी करशीत आनी मावशीबाय येवन आमकां धपके घालीत.

२ रो बुकलो : भियेंव नाका रे. जनेल उकतेंच आसा. पळून वच्चें आमी. सगळी तर न्हिदिल्लीं आसात. यो असो. (दोगूय मेळून तोप उगट्टात. धांपण्याचो आवाज आयकून मावशीबाय जागी जाता.)

मावशी : हर्त, हर्त. कोण रे थंय? (दोगूय भितात. मावशीबाय येता. दोगूय कुशीक लिपतात.) आगेबाये ! लोणया तोपावेलें धांपणे कोणे उडयलें काय ? (पळोवन) आरेच्चा तुमी हांगाय पावले ? सामके सतावंक लागल्यात हे दोगय बुकले म्हाका. उषा, ऊठ बेगीन. बडी हाड. (बडी सोदता) खंय दवल्ली काय हांणी बडी ? ती सुध्दा एका जाग्यार दवरिनात. (बडी सोदता)

१ लो बुकलो : घात जालो. मावशीबाय उठली. ती पळे आमकां मारूंक बडी सोदता. सांपडल्यार फाट सामकी पातळ करून सोड्टली.

२ रो बुकलो : हांगा रावत जाल्यार जातलीच फाट पातळ. पळूंया बेगीन.

१ लो बुकलो : पुण लोणयां गुळो रे ?

२ रो बुकलो : तोय व्हरूंया आनी थंय पोरसांत लिपून खावंया. (दोगूय तोपांतलो

लोणयागुळो भायर काड्टात आनी घेवन धांवतात. जनेलांतसून उडी मारून पोरसांत वतात.)

मावशी : बडी काय मेळना. लागींय कांयच मेळना हाताक मारीसारकें. ही लाटणीच मारता मोखून. (लाटणी मारता, नेम चुकता.)

दोगुय बुकलो : हाडलोच लोणयागुळो नज जाता करून. आतां झक मारूं थंय बडबट्टली बडबट्टली आनी वचून न्हिदतली.

मावशी : हर्त हर्त ! पाडाच पडूं ह्या बुकल्यांचे. केदो व्हडलो लोणया गुळो व्हेलो जाणा ह्या चोरांनी ? मरूं आशिल्ले हे. रातीच ताक चाळून हो लोणया गुळो काडून दवल्लेलो, महेशाक पावावांगडा दितलें म्हणून. हांचे बरेंच फावलें, मेळूंदी मात, जिबेक कोलती लायताच हांच्या. बरेच संवकल्यात चोरूंक. (पांयाचे जोते काडून तांचेर मोखता. फाटल्यान धांवता.) हर्त हर्त ! पाड पडूं हांचे (सोदता) खंय नाच्च जाले देव जाणा. म्हाका मात खरस काडली अवचिन्नांनी. (खर्शेत वता.)

१ लो बुकलो : (हळूच भायर येवन) गेली रे बाबा एकदांची मावशीबायची पिडा.

२ रो बुकलो : (भायर येवन) बरें जालें आमी लिपिल्ल्यान. नाजाल्यार ती आमकां बडयल्याबगर रांवची नाशिल्ली.

१ लो बुकलो : आनी इतले त्रास काडून, रातभर जाग्रण करून मेळयिल्लो लोणया गुळोय घेवन वतली आशिल्ली. ह्या चोरांक खावूंक दिवचे परस भायर वडयन म्हण.

२ रो बुकलो : आता काय कोण व्हरना न्हय ? मावशीबाय तर वचून न्हिदली. म्हण्टकीच आता आमी दोगूय सुसेगाद बसून अर्दो अर्दो खांवया न्हय ?

१ लो बुकलो : तुका हांव कित्याक म्हण दितलों ? सगळो हांव एकटोच खावपी.

२ रो बुकलो : तशें कशें जातलें ? तुका लोणया तोप हावेंच दाखयला. कांयच मेळना म्हणून वचूंक सोदतालो तूं. आनी आतां म्हाका शाणेपणां सांगता ? म्यांव म्यांव (झगडतात) .

१ लो बुकलो : तोप तुवें दाखयलो खरो. तोपावयलें धापणें हांवेंच काडलां न्हंय?

२ रो बुकलो : तातूंत कितें जालें ? तुवें धांपणे काडलें आनी हांवे मागीर तोपांतलो लोणया गुळो भायर काडलो.

१ लो बुकलो : हांवेंच तुका मदत केल्या. म्यांव म्यांव (झगडीं)

२ रो बुकलो : हळद लागली तुज्या तोंडाक. मदतीपरस तुवें बोवाळच चड केलो. धाकण्याचो मोठ्यान आवाजय केलो. आनी मावशीबाय मागीर जागी जाली. वेळ बरो आशिल्लो म्हजो, म्हणून सुटलों तिच्या तोंडातसून. तिणे मोखिल्ली लाटणी, एका केसाक चुकली म्हजेर बसूंक. आज मरे हांव कमर मोडून घरात पडलों आशिल्लों.

१ लो बुकलो : तूं कितेंय सांग, तुका हातूतलो इल्लोय वांटो मेळचो ना.

२ रो बुकलो : उपकाराक फांपार दिसता, हेदोळ बरो मात्सो यो रे, मात्सो यो रे म्हण्टालो. गुळो भायर हाडकीच आतां तुजी शाणेपणां ! तें कांय ना. म्हजो वांटो म्हाका मेळपाकच जाय.

१ लो बुकलो : ना ? ना ? ना ! तुका इल्लोय दिवचो ना.

२ रो बुकलो : कसो दिना तेंच पळेतां हांव.( झगड्यात म्यांव - म्यांव - म्यांव ) आरड आयकून झाडावेलो माकड जागो जाता. बारीक साणेन पळयता.

माकड : हे हे ! हे हे !! (स्वगत).

देवान ही काय बरी संद दिल्या म्हाका ? सकाळफुडें हो लोणयाचो गुळो खांवक मेळटलो सो दिसता.आयचो दीस खरोच बरो आसा.तकली मात्शी चलोवंची पडली. हांका फटौवन हो लोणयाचो गुळो उबारूंकच जाय. कितें करचें ?(चिंतता. थोड्यावेळान) हां! सुचलो उपाय ! वंता आता थंय. (मोठ्यान) हुप्प ! हुप्प!हुप्प !!!

ऑ सिंज्योर बुकीबाब ? बाँ दीय. कितें चल्लां ? अशे सकाळी सकाळी झगड्यात कित्याक ?

दोनी बुकले : (स्वगत) हो आनी कोण आयलो काय ? आमच्या लोणया गुळयाचेर काळ आयलो सो दिस्ता. दोगूयजाण आमी गुळया म्हऱ्यानूच बसूंया.

माकड : भोमानेस्त बुकीबाबांनो, तुमी कित्याक अशे झगड्यात ? म्हजेसारको जुवीज आसतना तुमकां कित्याक झगडूंक जाय ? म्हाका सांगात कितें जाले तें. हांव तुमकां न्याय दिता. ही पळेयात तागडी घेवनच आयलां. (तागडी दाखयता).

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000285

१ लो बुकलो : अशें ? बरें आसा.(दुसऱ्याक) हो पळे काळ मुखो ... तो आमच्या बऱ्याक न्हंय.आमी शादूर रावपाक ..., तुका शिटकायतां हांव.

(पद)

आयक म्हज्या भावा   आनी हांव सांगता ... ।
ह्या काळमुख्याचेर   तूं मातय पातयेंव नाका ।
काळमुखो येतलो   लोणी वांट्टां म्हण्टलो ।
सगलें लोणी खावन   आमकां धुतरो दाखयतलो ।

तुका सांगता, फाटी त्या माकडान आमकां शाणेपणां शिकोवन फटयलें ना ? आता हाचीच आमी वाट लांवया. (कानात फुतफुत्तात.)

२ रो बुकलो : हय भावा, तुजे म्हणणें पटलें म्हाका. आता हांव जुस्त करतां पळे. (मोट्यान) जुवीजबाब, सारकेच पळेयात हां SS.
हो लोणयांचो गुळो. हाजे हांव दोन वांटे करता. घे रे म्हज्या भावा हो तुका. खावन उडय पळोवंया . आनी हो उल्ला तो हांव खातां. (पोती माकडाफुडें धरून) जुवीजबाब, तुमचो पांयसरूच असो आसा की तुमी येना बराबरच आमकां न्याय करपाची बुध्द आयली.

दोगूय बुकले : (पद)

म्यांव म्यांव म्यांव   मिस्टर माकडमाम ।
...आइल्यान जालें   आमचें काम । म्यां S व ।
गुड बाय, गुड बाय   थँक्यू व्हेरी मच ।
तोंड काळें कर आनी   आयला तसो वच । म्यां SS व ।
म्यांव - म्यांव - म्यांव   जालें आमचें काम ।
...लो आमी घरा आता   घे आमचो सलाम । म्यां S व ।

(दोगूय बुकले एकदम सावधान जावन सलाम ...तात. दाहिने मूड करून लेफ्ट - राइट करीत वतात. एकदा ...वळून मोट्यान म्यां SS व करतात आनी वतात. माकड निशेवन पळेता.)

माकड : हांव हांका फटोवंक आयिल्लों खरोच पूण हाणीं म्हाकाच फटयलो. लज केली म्हाका सामकी. (पड्डो)

❑ ❑ ❑

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1165

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN